**“मानवता कार्याचें तीस दीस”- पुस्तकाचे प्रकाशन**

ता. 15 डिसेंबर 2021

केरळाचे लोकायुक्त, सर्वोच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधिश श्री. सिरियाक जोसेफ हे फाल्या ता. 16 डिसेंबर 2021 दिसा सकाळी 11.30 वरांचेर राजभवनार “मानवता कार्याचें तीस दीस” ह्या कॉफी टेबल बुकाचे प्रकाशन करतले.

हे पुस्तक राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी 8 ऑक्टोबर 2021 ते 7 नोव्हेंबर 2021 मेरेन केल्ले दौरे आनी कार्यक्रमांचेर आसा.

ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत श्री. दामोदर मावजो आनी अती विशिश्ट सेवा पदक विजेते गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी (फोगा)रियर एडमिरल फिलिपोज जॉर्ज पिनुमुट्टील हांचो सत्कार जातलो.

तशेंच राज्यपाल 5 समाज सेवा संस्थांक आनी 10 डायलिसीस दुयेंतींक अर्थीक मदत भेटयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1050

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji